प्रादेशीक 4 ऑक्टोबर 2026,
सांजेची 7.20 वरां

मुखेल खबरो
गोवा कॉलेज ऑफ फिजियोथेरपी आनी आरजी हॉस्पिटल हांच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या फुकट मेगा सुपर-स्पेशॅलिटी भलायकी शिबिराचें उक्तावण आयज मुखेलमंत्री डॉ  प्रमोद सावंत हांणी केलें.

ह्या पर्यटन हंगामात मॉस्कोच्यान दोनशें पंच्यायशीं प्रवाश्यांक घेवन पयलें चार्टर विमान दाबोळी विमानतळाचेर दाखल जाल्ल्याची म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.

नशामुक्त युवा आनी निरोगी समाजाचो संदेश दिवपाच्या उद्देशान, आयज मिरामार, पणजी हांगा 'नशामुक्त युवा मॅरेथॉन' आयोजित केल्ली.

प्रियोळ प्रगती मंच, माशेल हांणी आयोजीत केल्ल्या अखिल गोंय फुगडी चशक सर्तींत प्रियोळ-पिसगाळच्या श्री गुरु कला मंडळाक पयलें इनाम फावो जालां.

सीएम 85
गोवा कॉलेज ऑफ फिजियोथेरपी आनी आरजी हॉस्पिटल हांच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या फुकट मेगा सुपर-स्पेशॅलिटी भलायकी शिबिराचें उक्तावण आयज मुखेलमंत्री डॉ  प्रमोद सावंत हांणी केलें.
खाशेल्यो भलायकी सेवा, सल्लागार आनी बेगीन निदान लोकांक लागीं हाडिल्ल्यान खोस जाल्ल्याचें मत ह्या वेळार मुखेलमंत्री डॉ सावंत हांणी सांगलें.
ह्या शिबिरा खातीर 1 हजारां परस चड दुयेंतींची नोंदणी जाल्या.  तातूंतल्यान सुलभ प्रतिबंधात्मक भलायकी जतनाय घेवपाचें म्हत्व दिसून येता.
समाजा खातीर केल्ल्या समर्पीत सेवे खातीर दोतोर, वैजकी वेवसायीक, विद्यार्थी आनी आयोजकांची तोखणाय दिसता अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी मुखार म्हळें.

रोहन खंवटे 80

ह्या पर्यटन हंगामात मॉस्कोच्यान  दोनशें पंच्यायशीं प्रवाशी  दाबोळी विमानतळाचेर दाखल जाल्ल्याची म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.

गोंयची आंतराश्ट्रीय कनेक्टीवीटी अदीक घटमूट करप हाचेर सरकाराचें सदांत लक्ष्य आशिल्ल्याचें मंत्री खंवटे हांणी म्हळां. दरेक नवें विमान दाखल जावपा फाटल्यान थळाव्या वेवसायीकांक आनी समाजाक नव्यो संदी उपलब्द जाता अशें तांणी सांगलें. गोंयच्या दर्यादेगा वांगडाच गोंयच्या गांवांचो, गोंयच्या दायजाचो, आनी गोंयच्या अन्न पदार्थ लेगीत पर्यटकांनी आस्वाद घेवचो अशें खंवटे हांणी म्हळां. हो पर्यटन हंगाम अदीक बरो आसतलो हातूंत दुबाव ना अशें तांणी सांगलें.

सेवा संकल्प अभियान - 190

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात, हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता.

सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, 'आतंकवादा आड एक नवे पावल' हे वरवी ही नदर, कशी चालीक लायल्या, हाची एक देख, आमी तुमचे मुखार सादर करतात.

26/11 उपरांत, जेन्ना पाकिस्तानच्या बंदुकधाऱ्यानी मुंबयक चार दीस आपल्या ताब्यात दवरले, तेन्ना भारताची जाप फकत कागदपत्रा मेरेन मर्यादित उरली. ही माफी मागपाची सवय, सप्टेंबर 2016 वर्सा सोंपली. भारतीय सैन्यान नियंत्रण रेखा हुंपून लाँच पॅडार हल्लो केलो.

उपरांत, ते परत आयले आनी दिल्लीन हेविशी जाहिरपणान लेगीत सांगलें. ही कार्यवाय जावपा वांगडा, ताची घोशणा करप, हे लेगीत तितलेच म्हत्वाचे आशिल्ले. बालाकोटची कारवाय आनीक फुडें गेली.

फेब्रुवारी 2019 वर्सा मिराज झुजारी विमानानी, पाकिस्तानातल्या एका थळाचेर हल्लो केलो. जो, 1971 उपरांत आंतरराष्ट्रीय शिमेपलतडी जाल्लो, पयलो भारतीय हवाई हल्लो आशिल्लो. मे 2025 वर्सा ऑपरेशन सिंदूरान, एकाच रातींक णव सुवातांचेर हल्लो केलो. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला, भारतान फकत कागदपत्रा पुरते मर्यादित न रावता, आता प्रत्यक्ष उपाय येवजण्या मेरेन मुखार पावला मारल्यात.

प्रियोळ प्रगती मंच, 110 प्रसाद

प्रियोळ प्रगती मंच, माशेल हांणी आयोजीत केल्ल्या अखिल गोंय फुगडी चशक सर्तींत प्रियोळ-पिसगाळच्या श्री गुरु कला मंडळान पयलें इनाम पटकायलां. तांकां चशक आनी 1 लाख रुपयांचे रोख इनाम मेळ्ळें.

*निकाल:*

- *पयलें इनाम (1 लाख):* श्री गुरु कला मंडळ, प्रियोळ-पिसगाळ
- *दुसरें इनाम:* ओमसाई कला मंडळ, खांडोळा
- *तिसरें इनाम:* स्वरांजली महिला मंडळ, वागोण-धारबांदोडा

*उत्तेजनार्थ इनामां:* पयलें - ब्राह्मण राष्ट्रोळी संवर्धन, डिचोली; दुसरें - नवदुर्गा, केरी; तिसरें - देव बोडगेश्वर, म्हापसा; चवथें - सातेरी कला मंच, बेतोडा; पाचवें - अनंत साई महिला मंडळ, सावय-वेरे.

बक्षीस वाटप समारंभाक नामनेची गायिका हेमा सरदेसाई, आमदार गोविंद गावडे, सरपंच श्रद्धा फडते आनी हेर पंच सदस्य हाजीर आशिल्ले. मान्यवरांच्या हस्तुकी विजेत्यांक इनामां वांटलीं.

‘नशामुक्त युवा मॅरेथॉन’ 130 रश्मी

नशामुक्त युवा आनी निरोगी समाजाचो संदेश दिवपाच्या उद्देशान, आयज मिरामार, पणजी हांगा ‘नशामुक्त युवा मॅरेथॉन’ आयोजित केली.

मेरा युवा भारत, गोंय आनी गोंय ऑलिम्पिक असोसिएशन हांणी, गोंय सरकारच्या खेळा आनी युवा व्यवहार खात्याच्या सहकार्यान, ही मॅरेथॉन आयोजित केली. केंद्र सरकारच्या 'नशामुक्त युवा फॉर विकसित भारत – 100 संडेज कॅम्पेन'चो हो एक भाग आसा.
मिरामार सर्कल थावन सकाळीं मॅरेथॉनाक सुरवात जाली.

धांवप्यांनी करंजाळे पार्क मेरेन वचून परत मिरामार सर्कलाक मेरेन आयोजीत मेरोथोन वाटो घेतील्लो. राज्यसभेचे खासदार  सदानंद शेट तानावडे हे कार्यावळीक मुखेल सोयरे आशिल्ले.

ह्या उपक्रमांतल्यान युवकांमदीं अमली पदार्थांच्या सेवनाचे दुष्परिणामां विशीं जागृताय निर्माण करप, घटमुट भलायकी,  निरोगी जीवनशैलीक प्रोत्साहन दिवप, तशेंच नशामुक्त गोंय आनी नशामुक्त भारताचो संदेश पातळावपाचो उद्देश आसा.

विद्यार्थी, युवक मंडळां, खेळाडू आनी विविध युवा संघटनांचे प्रतिनिधी ह्या मॅरेथॉनांत वांटो घेतील्लो. मेरोथोन पुराय जाल्या उपरांत पदक भेटोवपाची कार्यावळ जाली.

घुमट आरती 200 प्रसाद
सम्राट क्लब बोरी आनी बोरी पंचायतीच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ले राज्यस्तरीय विद्यालयीन घुमट आरती सर्तींत मंगेशीच्या वागळे हायस्कुलान पयलें इनाम पटकायलां.

बोरी पंचायत सभागृहांत ही सर्त जाली. ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हूण सम्राट क्लब इंटरनॅशनलचे उपाध्यक्ष चंद्रकांत गावस, बोरी पंचायतीचे सरपंच सागर नाईक, उपसरपंच संगीता गावडे, पंच देवेंद्र गावडे, सम्राट क्लबाचे अध्यक्ष विनायक भेंडे, सचिव घनश्याम भट आदी मान्यवर हाजीर आशिल्ले.

'गांधी शिल्प बाजार' 90

भारत सरकाराच्या हस्तशिल्प विकास आयुक्ताच्या कार्यालयान 10 दिसांचें खाशेलें विपणन प्रदर्शन ‘गांधी शिल्प बाजार’ आयोजीत केलां.

ह्या प्रदर्शनांत देशभरांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांतल्या सुमार 70 कारागिरांनी वांटो घेतला, तातूंत गोंयचे 12 थळावे कलाकार आसात.

फाटल्या वर्साचे तुळेंत ह्या प्रदर्शनाक पर्यटक तशेंच थळाव्या नागरिकांचो व्हड प्रतिसाद मेळटा आनी विक्रींत खूब वाड जाल्या अशी म्हायती सहाय्यक संचालकांनीं दिली.
ह्या प्रदर्शनांत गोंयचें गिरेस्त हस्तकला दायज दाखयलां. ह्या प्रदर्शनांत नाल्लाच्या कट्टे पासून तयार केल्ल्यो वस्तू, मातयेचीं आयदनां, कोंकण प्रदेशांतली खाशेली ‘चितारी चित्रकला’, क्रॉशे हस्तकला आनी आकर्शक मातयेचीं कलाकृती हांचे पासून तयार केल्लीं वस्तू नागरिकांचें खाशेलें लक्ष ओडून घेतात.

टेनीस  75

कबीर पिंटो मखिजा  हांच्या मुखेलपणा खाला आनी गोंय टेबल टेनीस असोशियेशन तशेंच Gv tta च्या जोड पालवान आठवी ज्यो.फिलीप पिंटो यादस्तीक अखील गोंय टेबल टेनिस  सर्त 17 ओक्टोबराक क्लब टेनीस द गास्पार डायस स्टडीयमांत जातली.

सकाळीं 9 वरांचेर सर्तीक सुरवात जातली. सर्तींत मास्टर्स आनी एलीट अशा दोन विभागानी दोट्टी मेची खेळयतले. सर्ती खातीर  प्रवेशिका 12 ओक्टोबराक सांजेच्या  5 वरांमेरेन दिवपाक मेळटली. प्रवेशा खातीर दिनेश सिनारी,वा क्लायड बार्रेटो हांचेकडेन संपर्क सादचो  अशें जालवणदारांनी कळीत केलां.

हवामान 100
फाटल्या दोन दिसां सावन गोंयांत चडात ऱ्चड आनी उण्यांत उणें तापमान वाडत आसा,. आयज हवामान खात्यान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड 34.5 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें 25.4 अंश सेल्सियस तापमान जाल्यार मुरगांवांत चडांत चड 34 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें 25.7 अंश सेल्सियस तापमान नोंद जालां.

फुडले स दीस गोंयांत चडांत चड तापमान 32 ते 34 अंश आनी उण्यांत उणें 25 ते 26 अंश सेल्सियस उरपाची शक्यताय आसा. आयज गोंयांतल्या कांय वाठारांनीं मध्यम पावस पडला. 7 ते 9 ऑक्टोबर ह्या काळांत हवामान दमट उरपाची शक्यताय आसा. आता मेरेन गोंयांत 80.93 इंच पावसाची नोंद जाल्या.